# सरकार भौशीक गाराणीं विभाग सुरू करतलें- मुख्यमंत्री

ता. 13 मे 2022

सरकार राज्यांत भौशीक गाराणीं विभाग सुरू करतले, अशीं म्हायती मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिली. ज्या अधिकाऱ्यांआड कागाळ दाखल केल्ली आसा तांची योग्य चवकशी करून कडक कारवाय जातली. सरकारी अधिकारी हे लोकसेवक आसात आनी तांणी जनतेखातीर काम करपाक जाय, अशें तांणी सांगलें.

सांखळी हांगा खाण आनी भूगर्भशास्त्र संचालनालयाच्या जोड पालवान मिनरल फाऊंडेशन ऑफ गोवा हांच्या वतीन जिल्हा मिनरल फांऊडेशन, उत्तर गोंय हांचे खातीर आयोजीत प्रशिक्षण कार्यशाळेचें उक्तावण केले उपरांत आयज डॉ. सावंत उलयताले. ही कार्यशाळा खास करून गट विकास अधिकारी आनी ग्रामपंचायत सचिवांखातीर आयोजीत केल्ली.

गट विकास अधिकारी आनी ग्रामपंचायत सचिवांक मार्गदर्शन करतना मुख्यमंत्र्यान अधिकाऱ्यांनी सरकारी येवजण्यो आनी उपक्रम लोकांच्या दारामेरेन पावोवपाची गरज उक्तायली. सरकार साबार येवजण्यो सुरू करता ज्यो समाजातल्या सगळयां घटकांमेरेन पावपाक जाय. स्वयंपूर्ण गोंय उपक्रमावरवीं लोकांच्यो समस्या जाणून घेवन त्यो सोडवप शक्य जाल्ले आसा, अशेंय तांणी सांगलें.

पाळी, सुर्ल आनी हेर वांटारांतल्या खण पीठातले उदक उसपून ते शिंपणावळीखातीर वारपाची येवजण आसा, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी मामू हागे, वांगडी सचीव श्री मान्युएल बार्रेटो, डॉ. सचिन तेंडुलकर आनी हेर अधिकारी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.
म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/347

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji